Panaji national 17. 2.25 at 6.30pm

जग फॅशन फॉर एन्व्हायर्नमेंट अँड एम्पॉवरमेंटचे स्वप्न स्वीकारता आणि भारत या बाबतीत फुडारपण करू शकता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. खादी, आदिवासी कापड आणि नैसर्गिक रंगांचो वापर यासारखी उदाहरणा दीऊन शाश्वतता सदाच भारतीय कापड परंपरेचो अविभाज्य भाग उरला, अशे तांणी निदर्शनाक हाडले. काल सांजे नवी दिल्लीत भारत मंडपमात भारत टेक्स २०२५ त जाल्या मेळाव्यात

उलयताना तांणी म्हणले की, भारतातली पारंपारिक शाश्वत तंत्रा आता अत्याधुनिक तंत्रज्ञानान वाढयतात जाकालागुन कारागीर, विणकार आणि उद्योगाकडे संबंधित लाखांनी बायलांक फायदो जाता.

सरकारचे २०३० पर्यंत कापड निर्यात सध्याच्या तीन लाख कोटी रुपयांवेल्यान नऊ लाख कोटी रुपयांमेरेन वाढोवपाचे उद्दिष्ट आसा. तांणी अधोरेखित केले की, देशाच्या कापड आणि वस्त्र निर्यातीत फाटल्या वर्सा सात टक्के वाढ जाल्या. भारत आज कापड आणि वस्त्र निर्यातदार देशांपैकी सवो आसा. भारत उच्च दर्जाच्या कार्बन फायबरच्या निर्मितीच्या दिशेन मुखार सरता.सरकार कापड क्षेत्रा कुशल प्रतिभा पूल तयार करपाचेर काम करता अशेय मोदी हांणी सांगले

ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिचेर लैंगिक अत्याचार करुन उपरांत तिचो खून करपाच्या आरोपाखाला दोषी थारिल्ल्या विकट भगत हाका आयज जल्मठेपेची ख्यास्त फर्मायली. दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांणी आयज सकाळी ही ख्यास्त फर्मायली. खून आनी लैंगिक अत्याचार केल्ल्याच्या दोनूय आराेपाखाला जल्मठेप जाल्यार पुरावे नश्ट करपाच्या आराेपाखाली तीन वर्सांची सक्त मजुरी अशी ख्यास्त अासा.
१४ मार्च २०१७ ह्या दिसा डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिची कूड देवबाग - काणकोण हांगाच्या एका शेतात सापडिल्ली. तिचेर बळजबरी करुन उपरांत तिचो खून केल्ल्याचे उक्ते जाल्ले. या प्रकरणात ब्रिटीश दूतावासान लक्ष घाल्ल्यान हे प्रकरण पुराय संवसारात गाजिल्ले त्या खातीर आयच्या ह्या निकालाकडेन पुराय संवसाराचे लक्ष लागून उरिल्ले. ह्या खून प्रकरणाचा तपास काणकोणचे त्यावेळा वयले पोलीस निरीक्षक फिलोमेन कॉस्ता आनी राजन प्रभूदेसाय हांणी केल्ले.

भारतान रॉकेट मोटर्सला खातीर जगातले सगळयात व्हड १०-टन प्रोपेलेंट मिक्सर अनावरण केले
एक व्हड तांत्रिक प्रगती म्हणून, भारतान घन रॉकेट मोटर्सला खातीर जगातले सगळयात व्हड- धा टन प्रोपेलेंट मिक्सर विकसित केला. बेंगळुरूतल्या सेंट्रल मॅन्युफॅक्चरिंग टेक्नॉलॉजी इन्स्टिट्यूटच्या सहकार्यान इस्रोच्या सतीश धवन स्पेस सेंटरान हे मिक्सर डिझाइन केला. या मिक्सराचे वजन १५० टन आसा आणि त्याची उंचाय ८.७ मीटर आसा, त्याची लांबी ५.४ मीटर आणि रुंदी ३.३ मीटर आसा. हे रॉकेट प्रक्षेपणा

खातीर आवश्यक आशिल्या घन प्रोपेलेंट घटकांचे अचूक आणि सुरक्षित मिश्रण सुनिश्चित करता. इस्रोन 'अवकाशात आत्मनिर्भर भारत' उपक्रमांतर्गत अंतराळ तंत्रज्ञानात भारताच्या वाढत्या स्वावलंबनाचे प्रतीक अशे हाका संबोधला. ही प्रगत प्रणाली घन मोटर उत्पादनात सुधारित उत्पादकता, गुणवत्ता आणि सुरक्षिततेचे आश्वासन दीता. रिमोट-नियंत्रित ऑपरेशन्स सयत सुसज्ज, हे मिक्सर फाटल्या सप्तकांतत इस्रोक सुपूर्द केले, जे भारताच्या अंतराळ प्रवासात आनीक एक महत्त्वाचो पावंडो आसा

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणांअंतर्गत  दोन नवी खाशेलपणां जोडल्यात, जीं फकत नोकरी सोदप्यांकच न्हय तर नोकरी निर्माण करप्यांकय आकार दितली अशें केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलां.

नवी दिल्लींत दिल्ली विद्यापिठाच्या हिंदू म्हाविद्यालयाच्या 126व्या संस्थापक दिसाक संबोधीत करतना देशांतल्या तरणाट्यांक नोकरी सुरक्षीतताय, सभ्य जिवीत, अर्थीक सशक्तीकरण आनी हेर गजालींची गरज आसा अशें त्यांनी स्पश्ट केलें.

देशभरांत संशोधनाक चालना  दिवपा खातीर एक नवी  बुन्याद घालतले अशें प्रधान हांणी फुडें म्हणले . अनुसंधान नॅशनल रिसर्च फावंडेशन तयार करपाची सरकाराची कल्पना आसा आनी भारतीय उद्देगा खातीर एक लाख कोटी रुपयांचें व्याजमुक्त रीण उपलब्द आसा अशें तांणी सांगलें. विद्यार्थ्यांनि  हो निधी संशोधन आनी नवनिर्माणा खातीर वापरचो असो उलो मंत्री प्रधान  हांणी केला.

आज सकाळी नवी दिल्ली आणि उत्तर भारतात खुपशा भागात ४.० richter scale तीव्रतेचो भूयकांप जालो. राष्ट्रीय भूकंपशास्त्र केंद्र (NCS) प्रमाण, उत्पत्तीची वेळ ०५:३६ HRS आशिल्ली आणि केंद्र दिल्लीकडच्या ५ किलोमीटर खोलायेर आशिल्ले. NCS न माहिती दिली की, दिल्ली,

नोएडा, इंदिरापुरम आणि हेर NCR प्रदेशांक भूयकापाचो धक्को बसलो.  मालमत्तेचे वा जीवित हानीची खबर ना
आज सकाळी दिल्ली आणि आसपासच्या भागात भूकंपाचे धक्के जाणवल्या उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सगळ्यांक शांत रावपाचे आणि सुरक्षिततेची खबरदारी घेवपाचे आवाहन केले. सोशल मीडिया पोस्टात, मोदींनी नागरिकांक संभाव्य भूकंपा उपरांतच्या धक्क्यांखातीर सतर्क रावपाची शिटकावणी दिली आणि अधिकारी परिस्थितीचेर बारकाईन लक्ष दवरुन आसात अशे आश्वासन दिले.